# <u>गोठो सजावट सर्तीचो निकाल</u>

ता. 04 जानेवारी 2022

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान संस्थां/पंगड आनी वैयक्तीक/घरगुती अशा दोन गटांखातीर आयोजीत केल्ल्या राज्य पावंड्यावयल्या गोठो सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला. गौंयांत गोठो सजावटीची परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर दर वर्सा खात्यावतीन अशी सर्त आयोजीत करपात येता. ह्या वर्सा सर्तीत संस्थां/पंगड गटात 20 आनी वैयक्तीक/घरगुती गटात 40 जाणांनी वाटो घेतिल्लो.

संस्थां/पंगड गटात सर्तीचे पयले 25,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र होली क्रॉस मळार बॉयस, खुर्साभाट, वेळ्ळी साश्ट, दुसरे 20,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र होली क्रॉस बॉयस खामामळ, कुडचडे आनी तिसरे 15,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र शायनिंग स्टार दुळापे, दुळापे वेर्णा साश्ट हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र पोरयेभाट, आल्वा वेर्णा, साश्ट, सेंट जोसेफ क्रिब, रासय लोटली, क्रिब बॉयस, बायरो सांतईस्तेव्ह, तिसवाडी, सेंट, फ्रान्सिस झेव्हियर युथ, मैगाळ शिरोडा आनी युनायटेड बॉयस, चांद्रावाडो फातोर्डा मडगांव हांका फावो जाला.

वैयक्तीक/घरगुती गटात पयले 15,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र सॅबी आफोन्स, सांतईस्तेव्ह, पालमार तिसवाडी, दुसरे 10,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र फ्रान्सिस झेव्हियर डिसौझा, वाल्दारिसवाडो मार्णा शिवोली आनी तिसरे 7,500/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र लुईस जोसेफ फर्नांडिस, व्हडलेभाट, ताळगांव तिसवाडी हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 5,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र सायबिनो रॉड्रीग्स, चावडेवाडो, पार्से पेडणे, दुयान ए. परेरा, गांवसावाडो म्हापशें, इस्तेला जासिन्तो डिसौझा, नार्वा दिवाडी, वेरोन रोचा, दिकारपाल नावेली, साश्ट आनी मेल्विन मिंगेल फर्नांडिस, सांताकृज फोंडे हांका फावो जाला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/12

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji